प्रादेशिक खबरो    २१.०७.२०२५ @ ७.20

1 ७ वर्सां परस चड सेवा दिल्ल्या रोजंदारी कर्मचाऱ्यांक तात्पुरतो कर्मचारी दर्जो दिवपाचो निर्णय मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी जाहीर केला.
२ मोपा विमानतळासयत दाबोळी विमानतळ लेगीत कार्यरत उरतलो दाबोळी विमानतळ बंद जावचो ना अशे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी परत एकदा स्पष्ट केला
३ गोंयात प्लास्टर ओफ पेरीसाच्या गणपती मुर्ती विकप्याचेर सरकारान खर कारवाय करची ,तशेंच गोयात पारंपारीक पद्धतीन चिकट मातयच्यो मुर्त्यो करपी कलाकारांक गणपती मुर्त्यो विकपाक चवथी पयलीच्या काळात खासा दालन दीवचे अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय केल्या.
4 दक्षीण गोंयच्यो जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी घसघशे आनी बंद पडिल्ल्या चिरे खणींनी फोंडकुलां पडिल्ल्या वाठारांत प्रवेश करप्यां आड खर कारवाय करपाचे आदेश पुलीस आनी तलाठ्यांक दिले.

5 गोय सरकार फुडारात धर्मांतर विरोधात कायदो हाडपाचो विचार करता अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला

गणेश 110
७ वर्सां परस चड सेवा दिल्ल्या रोजंदारी कर्मचाऱ्यांक तात्पुरतो कर्मचारी दर्जो दिवपाची सुधारीत येवजण १ ऑगस्ट २०२५ सावन लागू जातली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज हो म्हत्वाचो निर्णय जाहीर केला. ह्या निर्णयाक लागून कर्मचाऱ्यांक चड वेतन, रजा आनी हेर सवलतींचो लाव मेळटलो. सुमार ३,००० कर्मचाऱ्यांक हाचो लाव मेळटलो. कारकून पदावेल्या कर्मचाऱ्यांक दर म्हयन्याक २५,००० रुपयांचें वेतन मेळटलें. हातूंत दर वर्सा ३% वाड दितले. दिसवड्या वेतनाचेर काम करपी मजुरांक, जर तांणी २०२० मेरेन ७ वर्सां पुराय केल्यार ताचें मूळ वेतन २०,००० रुपया इतलें थारायतले. २०२० सावन प्रतिवर्स ३% वाड दिल्ल्यान २०२५ वर्सा तांचें वेतन २३,१८५ रुपयां मेरेन जातले.

Rashmi 170
मोपा विमानतळासयत दाबोळी विमानतळ लेगीत कार्यरत उरतलो दाबोळी विमानतळ बंद जावचो ना अशे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी परत एकदा स्पष्ट केला. दोबोळी विमानतळावेली विमाना मोपाकडे वळयिल्लयान दाबोळी विनातळ

फुडारात  बंद  उडोवपाचो  सरकाराचो  विचार  आसा  कायं  किते  असो  प्रस्न  कळंगुटचे आमदार  मायकल लोबो हांणी विधानभा कामकाजाच्या प्रस्नोत्तराच्या वराक  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत  हांका केलो. ताका जाप दितना मुखेलमंत्र्यान दाबोळी विमानतळ बंद उडोवपाचो प्रस्नुच येना, उलट ह्या विमानतळाचे विस्तारीकरण ,साधन सुविदा  सुधारणाक सरकार  महत्व  दिता  अशे  म्हणला.  मोपा  विमानतळ  बांदल्या  उपरांत  गोंयात  येवपी वीमानांचो आकडो वाडला. मोपा विमानतळाकडल्यान सरकाराक  65 कोटी 88 लाख 60 हजार रुपयाचो फायदो जाला अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले. आणि दर दिसा  180  ते  190  विमाना  दोन्ही  विमानतळावेल्यान  यो  वच  करतात  अशी म्हायती  ह्यावेळार  मुखेलमंत्र्यान दिली

रश्मी 130
शापोरा कील्लो सामको बाबत स्थीतीन आसा. ह्या कील्ल्याचे फातर हलतात, पर्यटन थळ आशील्ल्या ह्या कील्ल्याचेर प्रसाधनघरांची सुविधा ना ताका लागुन कील्ल्याचे जाता तीतल्या बेगीन दुरूस्ती करची अशी मागणी आपणे 2022 सावन करता,कील्ल्याच्या दुरूस्तीखातीर चार फावट निवीदा लेगीत काडल्यात मात कील्ल्याच्या नुतनीकरणाच्या  कामाक साडेतीन वर्सां जावन लेगीत प्रत्यक्ष सुरू जांवक ना , गोंय पुरातत्व खाते हे काम केन्ना मेरेन  पुराय करतले काय असो प्रस्न शिवोलची आमदार डीलायला लोबो हाणी  पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांका विधानसभा अधिवेशनाच्या प्रस्नोत्तराच्या वेळार केलो.

शापोरा कील्ल्याचे नुतनीकरण खातीर 4.18 कोटी रूपया खर्च करपाचे थारला.वित्त खात्याक ही फायल मंजुरी खातीर धाडल्या.ही प्रक्रीया जाल्या उपरांत एका म्हयन्याभीतर हे काम सुरू करता अशे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दीले .ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान विधानसभा सोपच्या पयली कील्ल्याच्या नुतनीकरणाच्या कामाची वर्क ओर्डर दीवपाक लायता अशे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दीला.

रश्मी 120
पेडण्या तालुक्यात परवडपी दरात घरा बांदपाची तजवीज गोय सरकारान केला. हे वीशी उत्तर गोंय जिल्होधीकाऱ्याक सुचोवणी केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दील्या.

हावसिंग बोर्डाचे सुवातीचे मोल सर्वसामान्यांक परवडपी नाशील्ल्यान फकत गिरेस्त मनशांच ह्यो सुवाती घेंवक शकता,सरकारान हो प्रस्न सुटावो करचो तशेंच ह्यो सुवाती  घेवपाक 30 वर्साचो राबीतो दाखलो आसा तो बंधनकिरक आसा हो नेम खरसाणीन चालीक लावचो  अशी मागणी आमदार उल्हास नायक तुयेकार हांणी केल्या. जाल्यार अर्थिक रीत्या दुबळे आशील्ल्या सर्वसाधारण गटातले  गोंयकार एका रूमाचे घराची येवजणेचो लाव घेवपाक तयार ना अशी म्हायती मंत्री सुदीन ढवळीकार हांणी दील्या.

 प्रधानमंत्री आवास येवजणेवरवी राज्यात 240 घरा बांदल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीला.हे शिवाय समाज कल्याण खात्यावरवी अटल आसरा येवजणेवरवी अनुसुचित जाती तशेंच जमातींक घर बांदपाक 3 लाख रूपयाची अर्थिक मजत दीता अशे म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

रश्मी 170
गोंयात  प्लास्टर ओफ पेरीसाच्या गणपती मुर्ती विकप्याचेर सरकारान खर कारवाय करची ,तशेंच गोयात पारंपारीक  पद्धतीन चिकट मातयच्यो मुर्त्यो करपी  कलाकारांक गणपती मुर्त्यो विकपाक चवथी पयलीच्या काळात खासा दालन दीवचे अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी शुन्य वराक केल्या. युनायटेड कींगडमात काम करपी भारताच्या कांय नागरीकांक विसाची मुजत सोपील्ल्यान,तशेंच आवश्यक कागदपत्रा नाशील्ल्या थळाव्या सुरक्षा यंत्रणेन ताब्यात घेतला.हांतुन गोंयकार नागरीकांचोय आसपाव आसा,सरकारान अशा गोंयकारांकडे संपर्क साधुन तांची कायदेशीर सल्लागाराची मजत दीवन तांचो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी आमदार वेन्झी विएगश हांणी केला. प्रादेशिक आराखडो 2021 वरवी रस्तो रूंदीकरण करतना  लोकांची घरा,दुकाना तशीच आदली देवळा मोडची पडटली अशे दीसला, ही बांधकामा सरकारान वाचोवची अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी केली. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी  सुकोर्णा आशील्ली डोन बोस्को शेतकी म्हाविद्यालयाक मान्यताय नाशील्ल्यान हांगा शिक्षण घेतील्ल्या 200 परस पास जाल्ल्या विद्यार्थ्यांक  शेतकी खात्यातल्या शिरवीशीखातीर  अर्ज करपाक मेळना अशे  सभाघराच्या नदरेक हाडुन दीले. सरकारान हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी तांणी ह्यावेळार केला. जाल्यार वास्को शाराची लोकसंख्या वाडल्या.हांगा उदका पुरवणीचो सद्दा उणाव जाता,हो प्रस्न सरकारान सुटावो करचो अशी मागणी वास्कोचे आमदार दाजी साळकार हांणी केला.

डेस्क 30

रसत्यावेल्या भटक्या कुत्र्यांचो आणि गोरवांचो प्रश्न सतायता हाचो फटको गोयच्या पर्यटनाचेर बसता कारण पर्यटक भियेतात हचेर सरकरान उपाय काडून कारवाय करपाचे निर्देश पशुपालन खात्याक दिवचे अशे आमदार मायकल लोबो हाणी मागणी केली

सुशांत110

फाटल्या दोन दिसां सावन सेगीत पावस झडतूच आसा. घसघशे आनी न्हंयांच्या उदकाच्या प्रवाहाक नेट आयला, खणींचेर मारिल्ल्या खंदकांनी उदक भरलां. हेच फाटभूंयेर दक्षीण गोंयच्यो जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी जिल्ह्यांतलो कायदो आनी सुवेवस्थेचो आढावो घेतलो. हे बसकेंत तांणी घसघशे आनी बंद पडिल्ल्या चिरे खणींनी फोंडकुलां पडिल्ल्या वाठारांत प्रवेश करप्यां आड खर कारवाय करपाचे आदेश पुलीस आनी तलाठ्यांक दिले. खासा म्हणल्यार शेनवार-आयतारा ह्या सुवातांचेर गस्त वाडोवपाचे निर्देश पुलिसांक दिल्यात.

हे बसके वेळार साबार विशयांचेर चर्चा जाली. हातूंत वास्को दामबाबाचें सप्तक, स्वतंत्रताय दीस आनी हेर कायदो, सुवेवस्था हांचो आसपाव आशिल्लो. दक्षीण गोंयांत प्रेक्षणीय थळां आशिल्ल्या घसघश्यांचेर आनी उदकाच्या थळांचेर गोंयकार आनी पर्यटकांची वाडिल्ली गर्दी, तशेंच अपघातांच्या घडणुकांक लागून प्रशासनान ह्यान पयलींच प्रवेशाचेर बंदी घालपाचे आदेश लागू केल्यात विशयांचेर चर्चा जाली

रश्मी 150

गोय सरकार फुडारात धर्मांतर विरोधात कायदो हाडपाचो विचार करता अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.देशातल्या कांय राज्यांनी असो कायदो चालीक लायल्यात.गोय लेगीत ह्या बाबतीन विचार करता, तशेंच गोयात आतंकवादी संघटनांक तेको दीवपी संघटना सापडत जाल्यार ताचेर कडक कारवाय करतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोयात लव्ह जिहाद तशेंच आकांतवादी संघटनांचे sleeper cells त किते चलता ताचोय पुलिस सध्या घेतात,अशा मनशांचेर खर कारवाय जातली. राज्यातल्या पंचायतीनी तांच्या हद्दीत आकांतवादी संघटना, धर्मांतरण वा हेर अशी बेकायदेशीरपणा घडटा कांय कीते ते वीशी सादुर रावचे.तशेंच बिऱ्हाडाक दवरतना बिऱ्हाडकाराची कायदेशीर रीत्या जी कागदपत्रा जाय ती घेवन वेरीफीकेशन प्रक्रीया पुराय करची अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान केला. गोयांत सध्या 66 हजार बिऱ्हाडकारांचे police verification जाला अशी तांणी दील्या.

आयशा ह्या बायलेक उत्तर प्रदेशाच्या पुलीशेन धर्मांतरण करपाच्या तशेंच आकांतवादी संघटनेक काम करपाच्या गुन्ह्यावात अटक केला .हे फांटभुयेर गोय अशा बेकियदेशीरपणा करपाचे केंद्र जाता कांय किते असो प्रस्न विधानसभा अधिवेशनावेळार आयज लक्षवेधी सुचनेतल्यान उपस्थीत केल्लो.त्यावेळार मुखेलमंत्र्यान संबंधीत कायदो चालीक लावपावीशी घोशणा केल्या.

स्पोर्ट्स 40

Dr. बी सी रोय चल्याच्या कनिष्ठ राष्ट्रीय फुटबॉल सर्तीत गोय्चो तेलंगाना आडचो खेळ गोल शून्य बरोबरीत सोपलो. दुसरो खेळ २२ जुलैक जातलो.

खेळ आणि युवा वेव्हार खात्यान आयोजित केल्या १४ वर्सा सकयल्या बुद्धिबळ सर्तीत केपे तालुका पातळेचेर जेतेपद केपेच्या पोप जोन हायस्कुलान पटकायले

IMD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 26.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला